# इंधन बचत संघटनेच्या 'सक्षम' कार्यक्रमाचे उक्तावण

ता. 16 जानेवारी 2018
26 पौष 1939

नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हारमंत्री श्री. गोविंद गावडे हांचे हस्तूकीं आयज मिनेझिस ब्रागांझा संस्थेच्या सभाघरात इंधन बचत संघटनेच्या 'सक्षम' कार्यक्रमाचे उक्तावण जाले.

इंधन बचत संशोधन संघटनेन नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खाते आनी गोवा कॅनच्या सहकार्यान एका म्हयन्याच्या इंधन बचत जागृती मोहिमेचे आयोजन केला.

ह्या वेळार उलयताना श्री. गोविंद गावडे हांणी इंधन बचतीचे म्हत्व उक्तावन प्रत्येकान आपल्या घरात तशेंच घराभायर इंधनाची बचत करपाचो यत्न करपाक जाय अशें सांगले. इंधन हे आमच्या जीणेचो भाग आसून वाहन चालकांनीय इंधन बचतीखातीर प्रयत्न करपाची गरज आशिल्ल्याचे तांणी सांगले.

ह्या वेळार मंत्र्याहस्तूकीं पाच किलो एलपीजी सेवेचोय शुभारंभ केलो.

भारत पेट्रोलियम कंपनीच्या अधिका-यांनी इंधन बचतीच्या उपायांची म्हायती दिली.

गोवा कॅनचे श्री. रॉलांड मार्टिन, पीसीआर संघटनेचे समन्वयक श्री. निरज राठोड हांचेय उलवप जाले.

नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खात्याचे संचालक श्री. महेश खोर्जूवेकर, एलपीजी कंपनीचे सरवेवस्थापक श्री. संदीप पवार आनी खात्याचे कर्मचारी कार्यक्रमाक हजर आशिल्ले.